- फुडल्या म्हयन्याच्या 7 तारखेक 10 राज्यांनी आनी 2 केंद्रीय प्रदेशांतल्या 95 मतदारसंघांनी जावपी लोकसभा वैचणुकेच्या तिसऱ्या पावंड्या खातीर प्रचार नेटान चालू आसा.
- सव्या पावडयाचे लोकसभा वेंचणुकेची अधिसुचोवणी काल जारी जाल्या.
- मणिपूरांत आयज भायल्या म्हळ्यार outer मणिपूर संसदीय मतदारसंघांतल्या स मतदान केंद्रांनी परतून मतदान जातले जाता
- केनियांत काल माई माहिऊ वाठारांत धरण फुटून 40 परस चड लोकांक मरण.
- भारत आनी बांगलादेश पंगडा मजगती चालू आशिल्ल्या बायलांच्या पाच टी२० क्रिकेट खेळामाळेतलो दुसरो खेळ आयज दनपारा साडे तीन वरांचेर सिलेटात जातलो
- आयपीएल क्रिकेटांत, काल राती जाल्ल्या खेळांत कोलकाता नाईट रायडरसान दिल्ली कॅपिटलसाक सात गाडे राखून हारयले. आयज लखनौ सुपर जायंट्स आनी मुंबई इंडियन्स हांचेमजगती खेळ जातलो

**STORY**

फुडल्या म्हयन्याच्या 7 तारखेक 10 राज्यांनी आनी 2 केंद्रीय प्रदेशांतल्या 95 मतदारसंघांनी जावपी लोकसभा वैचणुकेच्या तिसऱ्या पावंड्या खातीर प्रचार नेटान चालू आसा. वेगवेगळ्या राजकी पक्षांचे मुखेल फुडारी एकाच दिसा वेगवेगळ्या राज्यांतल्या जायत्या मतदारसंघांनी जायत्यो रॅली आनी रोड शो करतात.

प्रधानमंत्री आनी भाजपाचो वरिश्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी हांणी काल कर्नाटकांतल्या बागलकोटे आनी महाराष्ट्रांतल्या सोलापूर आनी सातारा हांगा भौशीक बसका घेतली. कोणूच देशाचे संविधान बदलूंक शकना वा देशांतलें आरक्षण सोंपवंक शकना अशें प्रधानमंत्री हांणी सोलापूर रॅलींत लोकांक मार्गदर्शन करताना सांगलें. बाबा साहेब स्वता येवन आरक्षण सोंपपाक वा संविधानांत बदल करपाक सांगल्यार लेगीत तशे जावचे ना अशें तांणी मुखार सांगलें. संविधान बदलून आरक्षण सोंपपा विशीं विरोधकांनी फट पातळायता असो आरोप प्रधानमंत्री मोदी हाणी केला. सातारा रॅलींत राष्ट्रीय लोकशाय आघाडी सरकारान भौसा कडेन जोडपा खातीर आनी वेगवेगळ्या कल्याणाकारी येवजणांचेर प्रतिसाद मेळोवपा खातीर सोशल मिडिया सारकिल्या तंत्रगिन्यानाचो वापर केल्ल्याचे मोदी हांणी सांगलें. तशेंच विरोधी पक्ष बनावट व्हिडियो प्रसारीत करता असो आरोप मोदी हाणी केलो.

कॉंग्रेसीचो वरिश्ठ फुडारी राहुल गांधी हांणी आयज गुजरातांतल्या पाटन आनी छत्तीसगड शारांतल्या बिलासपूर शारांतल्या भौशीक

**STORY**

बसकांनी उलोवप केलें. ही लोकसभा वैचणूक फकत वैचणूक न्हय तर दोन विचारसरणीं मदले झूज आसा अशे बिलासपूरांत तांणी म्हणले.

भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी अमित शाह हानी काल बिहाराच्या बेगूसराय आनी मधुबनींत दोन रॅली घेतल्यो कॉंग्रेसीचे अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे हांणी यादगीर जिल्हयांतल्या गुरमीतकलांत रॅलीक मार्गदर्शन केलें. दर वाडिल्ल्यान आनी देशांतल्या बेकारीक लागून आयिल्ल्या लोकसंकश्टा विशीं तांणी उलयलें. कॉंग्रेस पक्ष गरीब समर्थक आसा आनी केंद्रांत इंडि युती सत्तेर आयल्यार दरेका घरांतल्या बायलेक एक लाख रुपया दितले अशें तांणी सांगलें. कॉंग्रेसचो

सरचिटणीस प्रियंका गांधी हांणी देशांत दर वाडपा खातीर आनी बेकारी खातीर केंद्र सरकाराक दोश दिला. कर्नाटकांतल्या गुलबर्गा संसदीय मतदारसंघांतल्या सेदामांत काल भौशीक रॅलींत तिणें उलोवप केलें. उत्तर प्रदेशांत समाजवादी पक्षाचे मुखेली अखिलेश यादव हांणी एटा, हाथरस आनी आग्रात वैचणूक रॅलींत उलोवप केलें.

बहुजन समाज पार्टीचो सर्वेसर्वा मायावतीन बदायूं जिल्ह्यांत जाल्ले रॅलींत भाजपाचेर टीका केली. भाजपान सगल्या केंद्रीय एजन्सींचें राजकारण केलां आनी हे खेपे ते जिखपाचे नात अशें तिणें सांगलें.

**STORY**

सच्या पावडयाचे लोकसभा वैचणुकेची अधिसुचोवणी काल जारी जाल्या. ह्या पावडयातले मतदान फुडल्या म्हयन्याच्या 25 तारखेक स राज्यां आनी एका केंद्रशासीत प्रदेशांतल्या 57 लोकसभा सुवातीचेर जातलें. दिल्लीतल्यो सगळयो सात सुवाती, हरियाणांल्यो सगळी धा सुवाती, उत्तर प्रदेशांल्यो चवदा सुवाती, बिहार आनी अस्तंत बंगालांतल्यो दरेकी आठ सुवाती, ओडिशांतल्यो स सुवाती आनी झारखंडांतल्यो चार सुवातीचो सव्या पावडयाचे वैचणुकेंत आस्पावता.

मजगती चवथ्या पावड्या खातीर उमेदवारी अर्ज फाटर्टी घेवपाचो काल निमाणो दीस आशिल्लो. णव राज्यांन आनी एका केंद्रीय प्रदेशांत पातळिल्ल्यो वह 96 मतदारसंघानी फुडल्या म्हयन्याच्या 13 तारखेक ह्या पावंड्यात मतदान जातले आंध्र प्रदेशाच्यो सगळयो 25 सुवाती, तेलंगणाच्यो 17 सुवाती, उत्तर प्रदेशाच्यो 13 सुवाती, महाराष्ट्राच्यो 11 सुवाती, मध्य प्रदेश आनी अस्तंत बंगालाच्यो दरेकी 8 सुवाती, बिहाराच्यो 5 सुवाती, झारखंड आनी ओडिशाच्यो दरेकी 4 सुवाती आनी एक जम्मू-काश्मीराची सुवाती खातीर ह्या पावंड्यात 13 मे दिसा मतदान जातले.

**STORY**

मणिपूरांत आयज भायल्या म्हळ्यार outer मणिपूर संसदीय मतदारसंघांतल्या स मतदान केंद्रांनी परतून मतदान सुरु आसप साविली.

उखरुल जिल्हयांतले पांच आनी सेनापतीं जिल्यातल्या एका मतदान केंद्रात आयज सकाळी 7 ते सांजे 4 मेरेन परतून मतदान जातले अशे वेंचणूक आयोगान सांगलें. 26 एप्रीलाक हया मतदान केंद्रांनी जाल्ली मतदान प्रक्रिया बाद मानून परतून मतदान करपाचे वेंचणूक आयोगान निर्देश दिल्या.

**STORY**

वेचणुके वेळार deepfake बनावट व्हिडियो आनी अस्तंत बंगालांत हिंसाचाराच्या प्रस्नांचेर भाजपाच्या शिश्टमंडळान आयज भारतीय वैचणूक आयोगाबरोबर बसका घेतली. काँग्रेस पक्ष आपल्या सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्माचेर deepfake बनावट व्हिडियो घालून लोकांक चुकीची वाट दाखयता अशे वेंचणूक आयोगाबरोबरचा बसके उपरांत खबराकारांक म्हायती दितना पक्षाचे वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय मंत्री अश्वनी वैष्णव हांणी सांगलें. तृणमूल काँग्रेसीन अस्तंत बंगालांत हिंसाचार चालूच दवरला, आनी हि गजाल असहय आसा अशे तांणी मुखार सांगला.

दुसरे वटेन भाजपान आपल्या लोकसभा घोशणापत्राचो चुकीचो उल्लेख केल्ल्यान काँग्रेसीनय वेंचणूक आयोगाची भेट घेतली उपरांत खबराकारांकडेन उलयतना पक्षाची वरिश्ठ फुडारी सुप्रिया श्रिनाते हांणी भाजपान काँग्रेसचा घोशणापत्राचो भाग नाशिल्ल्या घोशणांचो वापर करून काँग्रेसचो अपप्रचार करता असो आरोप केलो. राजकी प्रचारांत धर्मीक चिन्नां वापरपाचेरूय पक्षान हरकत घेतल्या अशें तिणें मुखार सांगलें.

**STORY**

भारतीय कॉम्युनिस्ट पार्टी CPI(M) पोलिट ब्युरोची वांगडी सुभाषिनी अली आनी केंद्रीय सचिवालय वांगडी मुरलीधरन हांचो आस्पाव आशिल्ल्या दोन वांगड्यांच्या शिश्टमंडळान काल नवी दिल्लींत वेंचणूक आयोगाची भेट घेतली घेतली. सांप्रदायिक तणाव वाडोवप, फट पातळावप, मतदारांक ध्रुवीकृत करपा खातीर तथ्य विकृत करपाविशी केल्ल्या वेगवेगळ्या कागाळींचेर शिष्टमंडळान ह्या बसकेंत भर दिलो. कांय टीव्ही खबरां चॅनल आनी प्रसार माध्यम संघटनांचे भुमिके विशीं शिश्टमंडळान हुस्को उक्तायलो.

**STORY**

केनियांत काल माई माहिऊ वाठारांत धरण फुटून 40 परस चड लोकांक मरण आयिल्ल्यान विध्वंसक हुंवारांतल्यान मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 120 परस चड जाला. केनियाचे अधिकारी भिरांकूळ परिस्थिती नियंत्रणात हाडपाखातीर झुजपावंड्यार यत्न करतात..

एल निनो हवामानाच्या पद्दतीक लागून हंगामी पावस चड वाडिल्ल्यान फाटल्या सप्तकांत उदेंत आफ्रिकेत व्हड प्रमाणांत पावस पडला.

ह्या वाठारांतल्या हेर कडेन बुरुंडींत सुमार एक लाख लोकांक स्थलांतरीत करचे पडला जाल्यार टांझानियांत उण्यांत उणे 58 जाणांक मरण आयलां आनी हजारांनी लोक बेघर जाल्यात.

**टी२० क्रिकेट ६०**

बामनांच्या बायलांच्या भारत आनी बांगलादेश पंगडामदी सुरु आशिल्ल्या 5 खेळांच्या टी२० क्रिकेट खेळामाळेतलो दूसरो खेळ आयज सिलेटात जातलो. हो खेळ सिलेट आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मैदानाचेर दनपारा ३.३० वरांचेर सुरु जातलो. दोनूंय पंगडामदी जाल्ल्या पयल्या टी 20 खेळात भारतान बेसबरो खेळ करताना बांगलादेश पंगडाचेर ४४ धावंड्यानी जैत मेळयल्ले. ५ टी २० खेळांच्या ह्या खेळामाळेत भारतान सद्या १ आड ० अशी आघाडी घेतल्या.

**STORY**

आयपीएल क्रिकेटांत, काल राती कोलकाताच्या इडन गार्डन्स मैदानार जाल्ल्या खेळांत कोलकाता नाईट रायडरसान दिल्ली कॅपिटलसाक सात गडे राखून हारयले.

जैताखातीरची १६४ धावड्यांची मोख कोलकाता नाईट रायडरसान १६.३ षटकात ३ गड्यांचा मोबदलयात पुराय केली. कोलकाता वतीनं फिल सॉल्टन सगळ्यांत चड 65 धांवड्यो काडल्यो.

ते आदी कुरुबावलो जिखून पयली फलंदाजी करताना दिल्लीन नेमून दिलेल्या 20 षटकात ९ गडे वगडावन १६३ धांवड्यो केल्यो. कुलदीप यादवान सगळ्यांत चड ३५ धांवड्यो काडल्यो.

आयज सांजच्या 7:30 वरांचेर लखनौ च्या एकाना स्पोर्ट्स सिटी मैदानार लखनौ सुपर जायंट्स आनी मुंबई इंडियन्स हांचेमजगती खेळ जातलो